## कॅप्टन ऑफ पोर्टस् खात्याच्या नव्या बोटीचे जलावतरण

ता. 9 जुलय 2018
18 आषाढ 1940

बंदर खात्याचे मंत्री श्री. जयेश साळगांवकर हांणी आयज पणजे कॅप्टन ऑफ पोर्टस् खात्याच्या जेटीचेर एम.एल.साळगांव हया नव्या बोटीचे जलावतरण केले.

कॅप्टन ऑफ पोर्टस् श्री. जेम्स ब्रागांझा आनी हेर अधिकारी हयावेळार हजर आशिल्ले.

न्हंय आनी दर्यातल्यान यंत्रसामग्रीची वाहतूक, बंद पडिल्ल्यो बोटी वा तारवांक ओडून व्हरपाक न्हंय येरादारीचेर नियंत्रण, फेरी बोटीची दुरूस्ती आनी हेर संबंदीत कामांखातीर हया बोटीचो वापर करपात येतलो.